**<u>गोंयच्या इतिहासाचेर संस्कृती भवनात परिसंवाद</u>**

ता. २६ नोव्हेंबर २०१९

पाटो-पणजी हांगाच्या संस्कृती भवनातल्या बहुउद्देशीय सभाघरांत ता. २८ नोव्हेंबर २०१९ दिसा "पुरातन काळासावन गोंयचो इतिहास" ह्या विशयाचेर कार्यशाळेचे आयोजन केला.

तशेंच कला आनी संस्कृती संचालनालयान त्याच दिसा म्हान इतिहासकार डॉ. पाडुरंग एस एस पिसुर्लेकर हांच्या 125 जयंती निमतान तांची जीण आनी योगदानाचेर परिसंवादाचेय आयोजन करपाचे थारायला.

ह्या वेळार अनेक इतिहासकार गोंयच्या इतिहासाचेर पेपर सादर करतले. पुरातत्व खात्याचे सचिव श्री. चोखाराम गर्ग हे कार्यक्रमाचे मुखेल सोयरे आसतले. सकाळी ९.30 वरांचेर कार्यक्रमाचे उकतावण जातले. उपरांत अभ्यास सत्र, संशोधन पेपरांचेर चर्चा जातली. संशोधक आनी इतिहासकारांनी दिसभराच्या परिसंवादाक हजर रावचे, अशें आयोजकानी मागला.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ २०१९/८०४

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA